# धेंकर केन्ना येयलोच ना

**प्रकाश पर्येकार**

*करंदाय कित्याक मारता ?*
*फाटीन-फाट भर*
*सारणिचो मुगडो*
*पडना फुडें...*
*तो भुकेक वळवळपी पोर*
*मोठ्यान हुयेल मारता ...*
*ती भुकेल्ली हुयेल*
*भीक मागीत भोंवता*
*एके उंडये खातीर*
*घरान घर*
*दारान दार ...*
*पूण कोणाच्याच घराक*
*कंठ फुटना*
*कोणाचेंच दार उगडना ...*
*हें पळोवन,*
*ती तिस्टल्ली हुयेल*
*फोडटा हामेल*
*ब्रम्हांड गाजोवपी*
*तेन्ना बसतात कानठळ्यो*
*भूस मारतल्यांच्यो ...*
*पूण, त्याच खिणाक*
*सुट्टात धेंकर*
*एकार-एक*
*आनी भोंवडटात हात*
*सुस्तावल्ल्या पोटांवयल्यन ...*
*हांगा हुडके-हुडकेत*
*फटकुऱ्यार आड पडिल्लो पोर*
*खिणभरूच भूक विसरता*
*आनी, अजापीत जावन*
*कान दिवन आयकता*
*धेंकरांची किमया*
*कारण त्या पोरान केन्ना*
*धेंकर आयकूंकच ना*
*आनी ताका धेंकर केन्ना*
*आयलोच ना ...*